# शिरोडकर हांणी करमळी तळ्याची पळोवणी केली

ता. 12 मे 2022

उदका संसाधन मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी आयज करमळीच्या तळ्याक भेट दिवन तळ्याच्या वांठाराची पळोवणी केली. आमदार राजेश फळदेसाय, उदका संसाधन खात्याचे मुखेल अभियंता श्री प्रमोद बदामी, कार्यकारी अभियंता श्री नाझारेथ वाज, पालवी अभियंता श्री मिलिंद गावडे आनी हेरांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली. श्री शिरोडकर हांणी पाचमानस वांठाराकय भेट दिली.

मंत्री श्री शिरोडकर हांणी तळ्याच्या वांठारांत नितळसाण दवरपाक आनी देखभालीच्या कामाक प्राधान्य दिवपाचे आदेश उदका संसाधन खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिले. श्री.शिरोडकर हांणी सांगलें, करमळीचे तळे हे राज्यातले सगळ्यात व्हड तळे आसून ह्या तळ्याचो विकास करपाक भरपूर वाव आसा. ह्या तळ्याच्या वांठारांत खुप अशें थळावें पक्षी आसात. तशेंच वेगवेगळ्या वांठारांतल्यान मोसमी पक्षींय ह्या तळ्याच्या वांठारांत येतात आनी त्या खातीर करमळीचें तळे म्हळ्यार एक ल्हान पक्षी अभयारण्य म्हणू येता. आमी ह्या तळ्याचो सांबाळ करपाक जाय. ह्या तळ्याक इतिहासिक आनी पर्यावरणीय म्हत्त्व आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या तळ्याच्या वांठाराचेर रानां खात्याचो ताबो आसून उदका संसाधन खात्यान तळ्याचो विकास करपाखातीर फुडाकार घेतला. तळ्याचो विकास करपाखातीर उदका संसाधन खात्यान अंदाज खर्च अहवाल तयार केल्लो आसून तो मंजूरीखातीर पर्यावरण मंडळाकडेन धाडिल्लो आसा, अशीं म्हायती श्री.शिरोडकर हांणी दिली.

तळ्यातलो गाळ काडप, तळ्यात वाडिल्ली हिरवळ काडप, तळ्याकडेक अतिक्रमण जावपाक दिवप ना, प्रदुशण थांबोवप ह्या खातीर उपाय करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

आमदार राजेश फळदेसाय हांणी तळ्याचो विकास आनी सुशोभीकरणाच्या कामाक रोखडीच सुरुवात जातली, अशी आस्त उक्तायली. तळ्याचो विकास जाल्या उपरांत पर्यटक आनी खास करून पक्षी प्रेमी तळ्याकडेन आकर्शित जातले, अशें तांणी सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/343

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji